११.०७.०२०२५ सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र,

राष्ट्रीय खबरो

बिहारांत मतदार यादींच्या खाशेल्या सघन पुनर्विलोकनाचे 66 टक्के काम मुजतीचे सुमार दोन सप्तकां आदीं पुराय जालां. 24 जूनाक मतदान वळेरी सुदारणा मोहीम सुरू जाले उपरांतच्यान काल सांजे 6 मेरेन 5.22 कोटी वयर मतदार नोंदणी अर्ज आयल्यात. म्हळ्यार राज्यांतल्या वट्ट 7.89 कोटी मतदारांतले 66.16 टक्के अर्ज आयल्यात. ही प्रगती मतदारांच्या सक्रीय सहभागाक आनी हे प्रक्रियेंत जाण्टे, अपंग, दुयेंत आनी दुबळ्या मतदारांक मजत करपी 77,895 बूथ पातळेवेले अधिकारी (बीएलओ), 20,000 आवयर नव्यान नेमिल्ले बीएलओ आनी 4 लाखां वयर स्वयंसेवकांच्या खर यत्नांक लागून जाल्या अशे वेंचणूक आयोगान सांगले. ते भायर सगल्या मान्यताय मेळिल्ल्या राजकी पक्षांनी नेमिल्ले 1 लाख 56 हजार बूथ लेव्हल एजंट (बीएलए)य ह्या कामाक आदार दितात. ह्या मोहिमे खातीर सुमार 79 लाख फॉर्म छापले आनी सुमार 98 टक्के म्हळ्यार सुमार 77.1 लाख फॉर्म - 24 जून मेरेन वेंचणूक वळेरेंत नांवां आशिल्ल्यांक वांटले.

अमेरिकेच्या अंतराळ एजन्सी नासान सांगलां की, भारतीय अंतरिक्ष यात्री गट कॅप्टन शुभंशु शुक्ला आनी एक्सियम-4 मिशनांतल्या हेर तीन क्रू वांगड्यांचो परत येवपाचो प्रवास 14 जुलय सावन सुरू जातलो. नासाच्या कमर्शियल क्रू प्रोग्राम के प्रबंधक स्टीव स्टीच हांणी पत्रकार परिशदेंत ही म्हायती दिल्या. परत येवपाची मोहीम सुरू जाले उपरांत जायत्या वरां उपरांत अंतरिक्षयात्री कॅलिफोर्निया दर्यादेगे लागसार प्रशांत म्हासागरांत देंवतले. गट कॅप्टन शुक्ला आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्र-आयएसएस हांगा 14 दिसांच्या मोहिमेर आसा. शुक्ला आयएसएसांत पावपी पयलो भारतीय आनी 1984 वर्सा अंतरिक्षांत गेल्ल्या विंग कमांडर राकेश शर्मा उपरांत दुसरो भारतीय अंतरिक्षयात्री जाला. गट कॅप्टन शुक्ला हाणें अंतरिक्षांत भारत विशिश्ट सात प्रयोग केले. एक्जिओम 4 वा मिशन 'आकाश गंगा' भारताच्या गगनयान मानव अंतरिक्ष उड्डाण मोहिमेच्या दिकेन पयले म्हत्वाचे पावल आसा. शुभंशु आपलें मिशन पुराय करून परत येवपाक तयार आसा हाचो खूब अभिमान दिसता अशें गट कॅप्टन शुक्लाच्या आवय-बापायन सांगलां.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह दोन दिसांच्या केरळ भोंवडेर आयज तिरुवनंतपुरमांत पावतले. राज्यांतल्या सात महसूल जिल्हयांतल्या भाजपाच्या वॉर्ड समितीच्या पदाधिकारींचे बसकेंत ते मार्गदर्शन करतले. तशेंच मंत्री शाह हे भेटी वेळार तिरुवनंतपुरमातल्या पक्षाच्या नव्या राज्य मुख्यालयाचें उक्तावण करतले.

घाना, त्रिनिदाद आणि टोबॅगो, अर्जेंटिना, ब्राझील आणि नामिबिया या पाच देशांच्या दौऱ्या उपरांत प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी काल नवी दिल्लीत परतले. आपल्या दौऱ्या वेळार तांणी भारता वांगडचे संबंध अधिक मजबूत करण्याबाबत चर्चा करपाक या देशांच्या मुखेल्यांकडे संवाद साधलो. बायट

भारत एक विस्वासपात्र अर्थवेवस्था, जागतीक मोल साखळींतलो विस्वासपात्र भागीदार आनी अस्थिर संवसारांत स्थिर नांगर जावपाच्या योग्य मार्गाचेर आसा अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी सांगलां. सध्या संवसारांत अस्थिरताय आसा. ह्या अस्वस्थ परिस्थितींत भारत हो एक मुखेल आवाज अशें उपराष्ट्रपती हांणी स्पश्ट केलें. नवी दिल्लींतल्या सीआयआय-आयटीसीच्या शाश्वत पुरस्कार कार्यावळींत उलयताना उपराष्ट्रपती धनखर हाणी ही म्हायती दिली. बायट

केंद्र सरकारान हुंवाराक, आनी भूंयकांपाक लागून लोकजीण विस्कळीत जाल्ल्या आसाम, मणिपूर, मेघालय, मिझोराम, केरळ, आनी उत्तराखंड राज्यांक एक हजार 66 कोटी रुपया वयर निधी मंजूर केला. गृह मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण आसामा खातीर 375 कोटी, मणिपूराक 29 कोटी, मेघालयाक 30 कोटी, मिझोरामाक 22 कोटी रुपया, केरलाक 153 कोटी, उत्तराखंडाक 455 कोटी परस चड रुपया मंजूर केल्यात.

श्रावण म्हयन्याची वर्सुकी कॉंवड यात्रा आयज सुरू जाता. कॉंवड यात्रे वेळार व्हड प्रमाणांत लोक उत्तराखंडांतल्या हरिद्वार, गौमुख, गंगोत्री ह्या थळांचेर वचून गंगा न्हंयेचें पवित्र उदक हाडटात. दिल्ली, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड सरकारांनी यात्रेकरुंचें वेवस्थापन करपाची विस्तारान वेवस्था केल्या.

काश्मीर देगणांत पडपी पावसामदीं हजारांनी भक्त अमरनाथच्या पवित्र गुहेंत दर्शन घेत आसात. आतां मेरेन दर्शन केल्ल्या यात्रींचो आंकडो 1.45 लाखांवयर पावला. 3 जुलयाक सुरू जाल्ल्या यात्रेच्या आठव्या दिसा काल अमरनाथ यात्रेंत 17 हजार 22 यात्रेकरुंनी दर्शन घेतलें. हाचे वांगडा आयज मेरेन पवित्र गुहेत दर्शन घेतिल्ल्या यात्रेकरुंचो वट्ट आंकडो 1 लाख 45 हजार आनी 716 जाला. मजगतीं, 6482 यात्रेकरुंचो नवो पंगड आयज सकाळीं जम्मूंतल्यान खर सुरक्षा वेवस्थे खाला भायर सरलो. भगवती नगर यात्री निवास बेस कॅम्पातल्यान काश्मीर देगणांत अमरनाथ लेण्याच्या तीर्थयात्रेक वचपी यात्रेकरुंचो हो 10वो गट आशिल्लो. भगवान शिवाची रुप्याची गदा म्हळ्यार 'छडी मुबारक' पहलगामांत पावल्या. हाचे वांगडाच वर्सुकी अमरनाथ यात्रेक संबंदीत शेंकड्यांनी वर्सां पोरनी परंपरा औपचारीकपणान सुरू जाल्या. 9 ऑगस्टाक सोंपपी अंदूच्या यात्रेखातीर 4 लाखां वयर भक्तानी ऑनलायन नोंदणी केल्या.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थान आनी मध्य प्रदेशाचेर कांय सुवातानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, अरुणाचल प्रदेश, छत्तीसगड, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, उत्तराखंड ह्या वाठारांनीय दीसभर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान फुडल्या 2 दिसांत उत्तर प्रदेश, गुजरात, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी ईशान्य राज्यांचेर गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, आंतरीक कर्नाटक, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, तेलंगना वाठारानी नेटान वारें व्हावपाची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या. आयज तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल ह्या वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामान पातळपाची शक्यताय आसा.

जॉर्जियाच्या बातुमी शारांत जाल्ल्या फिडे बायलांच्या संवसारीक बुध्दिबळ करंड 2025 सर्तीत भारतान प्रभावी कामगिरी केली. काल तिसरे फेरयेंत चार खेळगड्यानी आपली सुवात सुरक्षीत केली. पयल्या क्रमांकाचेर आशिल्ली ग्रॅण्डमास्टर कोनेरु हंपीन दुसर् या खेळांत उझबेकिस्तानाची आफ्रोझा खामदामोवा कडेन बरोबरी केली. दोन फावटीं कांस्य पदक जिखपी द्रोणवल्ली हरिका हिणें पी.व्ही.नंदीधाक हारयले आनी 32 व्या फेरयेंत प्रवेश केलो. हेर मॅचींनी आर.वैशालीन कॅनडाची माइली-जेड ओउलेट आनी दिव्या देशमुखान जॉर्जियाची केसरिया मेगेलाझे हिका हारयली आनी दोगांयनी आपापल्यो मॅची सरळ खेळांत जिखून निमाण्या 32 व्या फेरयेंत प्रवेश केलो.

क्रिकेटांत लॉर्ड्स खेळामैदानार जावपी तिसरे कसोटीच्या दुसऱ्या दिसा भारता आड 4 गडे वगडायत 251 धांवड्यावेल्यान यजमान इंग्लंड पंगड आयज खेळ परतून सुरू करतलो. भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली.